6th February 2026 Panaji 7.25 am

Regional News

विद्यार्थ्यांनी चडात चड वाचन करून आपले गिन्यान आनी समज वाडोवपाक जाय. व्यक्तीगत, शीक्षणीक आनी सगळे प्रकारच्या उदरगती खातीर वाचन म्हत्वाचे आसा, अशें राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी म्हणला.कांपाल - पणजी हांगा नॅशनल बूक ट्रस्टतर्फे पुस्तक महोत्सव सुरू आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी बुधवारा महोत्सवाचे उक्तावण जालें. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी महोत्सवाक भेट दिवन पुस्तकांची पळोवणी केली. हे वेळार राज्यपालांनी उपस्थित विद्यार्थ्यांकडेन संवाद सादलो.

-------------------------------------------------

फार्मागुडीच्या, गोवा विद्या प्रसारक मंडळ संस्थेच्या नव्यान बांदिल्ल्या कॉमर्स हाऊस आनी विद्या प्रसारक ह्या दोन नवीन इमारतींचें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल उक्तावण केलें. ह्या वेळार वीज मंत्री सुधीन ढवळीकार. बांदोडा पंचायतीचे आदले सरपंच रामचंद्र नायक, गोंय विद्या प्रसारक मंडळाचे सार्वत्रिक सभा अध्यक्ष भास्कर खंडेपरकार, गोंय विद्या प्रसारक मंडळाचे कार्यकारी समितीचे अध्यक्ष कृष्ण शेटये, सचीव दीपक गांवकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक आयज कुशळटायेचेर आदारिल्लें प्रशिक्षण दिवचें आनी शिक्षकांनी तांकां तांच्या प्रवृत्ती प्रमाण कुशळटाय आदारीत शिक्षणाचे दिकेन मार्गदर्शन करचें अशें आवाहन केलें.

स्मार्ट मीटरांक लागून वीज वापरांत सुदारणा जातली. लोकांक तांचो दिसपट्टो वापर कळटलो. स्मार्ट मीटरिंग ही काळाची गरज आसा, कारण गिरायकांक तांच्या दिसपट्ट्या वीज वापराचे प्रमाण कळटले. हाका लागुन वीज बीलांच्य बाबतीन पारदर्शकता येतली. आपणे कीतली लायट वापरली आनी ताचेप्रमाण कितले बील आयले हाचो हिशोब आता गोंयच्य वीज गिरायकाक मेळटलो अशे मत वीज खात्याचे मुखेल अभियेंता स्टीफन फर्नाडीस हांणी उक्तायला.स्मार्ट मीटराची जोडणी 2027 मेरेनपुराय जातली असो अदमास तांणी उक्तायलो. संयुक्त वीज नियंत्रण आयोगाची उत्तर गोंयाखातीरची बसका काल पणजे institute menezes Braganza सभाघरात जाली. ह्यावेळार नागरीकांनी वीज पुरवणे विंशी प्रस्न तशेच वीज बीलाविंशीचे दुबाव आयोगामुखार मांडले.

गोयांतल्या राष्ट्रीय तंत्रज्ञान संस्थेचो 11 वो दीक्षांत सुवाळो आज सकाळी 10:00 वरांचेर कुंकळे संस्थेच्या संकुलात जातलो. भारतीय अणुऊर्जा आयोगाचे आदले अध्यक्ष पद्मविभूषण डॉ. अनिल काकोडकार ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हणून उपस्थित रावतले. 'ग्रोथ ग्रेव्ही'चे संस्थापक आणि ह्याच संस्थेचे आदले विद्यार्थी वीरेश वझिराणी हे या कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हणून उपस्थित आसतले.

या दीक्षांत सुवाळ्यांत वट्ट 216 विद्यार्थ्यांक पदवी प्रदान करतले. हातूंत 162 बी.टेक, 30 एम.टेक आणि 24 पीएच.डी संशोधकांचो आस्पाव आसा.

गोंयचे नामनेचे उद्देजक आनी श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठ समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांकां अंदूंचो प्रतिश्ठेचो विद्याधीराज पुरस्कार जाहीर केला. तेच प्रमाण हेर पुरस्कार मठान जाहीर केल्यात. जिवोत्तम पुरस्कारा खातीर तीन मानेस्तांक वेंचून काडल्यात तातूंत बेंगळुरूचे अमरनाथ कामथ, मुंबयचे श्रीनिवास भट आनी गोंयचे अनिल पै हांचो आस्पाव आसा. हाचे भायर गोकर्ण हांगांच्या वेदमूर्ती श्रीधर भट हांकां पुरुषोत्तम पुरस्कार जाहीर केला.मठाच्या ५५१व्या स्थापणूक दिसा म्हळयार २० मार्च शुक्रारा मठाधीश श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ स्वामीजी हांचें हस्तुकीं हे पुरस्कारांचे वांटप जातलें अशंें मठ समितीन जाहीर केला.

बिरेस्तारा पणजेत सेल्सियस चडांत चड तापमान 35.4 अंश जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 22.5 अंश इतले नोंद जाला तर मुरगांवां चडांत चड तापमान 34.6 अंश celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 21.4 अंश सेल्सियस नोंद जाला. पुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान 33 ते 35 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.11 फेब्रुवारी मेरेन गोंयांतलें उण्यांत उणें तापमान 21 ते 22 अंश सेल्सियस मजगतीं आसतलें. गोंयांत 6 ते 11 फेब्रुवारी मजगतीं कांय वाठारांनी फांतोडेर धुकें पडपाची शक्यताय आसा. हे मजगतीं, वातावरम सुके आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

क्रिकेटांत आयज झिंबाब्वेच्या हरारे हांगा जावपी 19 वर्सां सकयल्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत भारत इंग्लंडा आड खेळतलों. हि मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपरा एकाक सुरू जातली.